# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# अलविदा फारो!




बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Lyn Doerksen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस



सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.





फारोक राग आयलो! देवान ताका मोयजेसा वरवीं इज्रायल गुलामांक इजिप्त सोडून वचूंक दिवपाची आदन्या केल्ली. ताणें न्हयकार दिलो. “तांकां आनीक कश्ट कर”, फारोन आपल्या गुलाम मालकांक आदेश दिलो. आतां इज्रायल लोकां खातीर गजाली आनीक वायट जाल्यो.


“तुजें स्वताचें तण एकठांय करात. आमी आतां तें दिवचे नात. पूण तितलेच विटो तयार करात.” फारोचे नवे आदेश आशिल्ले.
3


काम दिवपी मालकांनी कांय गुलामांक चाबकान मारले कारण तांकां तण एकठांय करपाक आनी फावो ती विटो
करपाक वेळ नाशिल्लो.
4


लोकांनी मोयजेस आनी आरोनाक आपल्या संकश्टां खातीर दोश दिलो. मोयजेसाक मागणें करुंक एक सुवात मेळ्ळी. “हे सर्वेस्पर” तो रडलो, “तुवें तुज्या
लोकांक बिल्कुल सोडयले नात.” “हांव सर्वेस्पर, तुका भायर काडटलो” देवान जाप दिली.
5


मागीर देवान मोयजेस आनी आरोनाक परत फारो कडेन धाडले. पराक्रमी राज्यकर्त्यान देवाच्या सेवकांक देवा कडल्यान एक चिन्नां मागली,
तेन्ना आरोनाचो दंड सरकपी सरोप जालो.
6


“म्हज्या जादूगारांक आपय” फारोन गर्जना केली. इजिप्तांतले जादूगारांनी आपलीं दंडां सकयल उडयलीं तेन्ना दरेक दंड सरोप जालो. पूण आरोनाच्या दंडान हेरांक गिळ्ळें. तरी लेगीत फारोन लोकांक सोडपाक न्हयकार दिलो.
7


दुसऱ्या दिसा सकाळीं मोयजेस आनी आरोन न्हंयचेर फारोक मेळ्ळे. आरोनान आपली दंड वाडयली तेन्ना देवान त्या उदकाक रगतांत रुपांतर केलें.
नुस्तें मेलें! लोकांक तें पियेवंक मेळ्ळें ना!
8

पूण फारोन आपलें काळीज कठीण केलें. ताणें इज्रायल लोकांक इजिप्त सोडून वचूंक दिवंक ना.



9

परत, मोयजेसान फारोक देवाच्या लोकांक सोडून दिवंक सांगलें. फारोन परतून न्हयकार दिलो. देवान आनीक एक महामारी धाडली. सगळो इजिप्त बेब्यांनी भरिल्लो. दरेक घर, दरेक कुडी, रांदपाचे ओव्हन लेगीत बेब्यांनी भरिल्ले!



10

“म्हाका मागणें कर, देवान बेबकी काडून उडोवंक” फारोन विनवणी केली. “आनी हांव तुज्या लोकांक सोडून दितलों.” पूण, बेबकी गेले उपरांत फारोन आपलें मत बदललें. तो गुलामांक मुकत करनाशिल्लो.



11

देवान मागीर ल्हान ल्हान किडे धाडले. दर एक मनशाक आनी जनावराक चाबल्ल्यान खाज येताली, पूण फारो देवा मुखार हार माननाशिल्लो.



12



फुडें देवान मच्छर धाडले, तांचो झुंड. देवान इजिप्तांतल्या लोकांच्या पशुधनांक मारपा खातीर रोग धाडलो. देवान फोड धाडले. लोकांक भिरांकूळ त्रास जाले. तरी लेगीत फारोन देवाचो विरोध केलो.

13

फोडांच्या महामारी उपरांत देवान भरपूर तोळ धाडले. जमनींतली दरेक पाचवी वनस्पत तोळांनी खाल्ली.



14


मागीर देवान तीन दीस पुराय काळोख धाडलो. पूण हट्टी फारो इस्रायल लोकांक मुकत कर नाशिल्लो.
15


“आनीक एक महामारी धाडटलो” देवान शिटकावणी दिली. “सुमार मध्यान राती मनशाचे आनी जनावराचे सगळे पयलेच भुरगे मरतले.” देवान इस्रायल लोकांक सांगलें की तांणी आपल्या दाराच्या खांब्यांचेर मेंढ्र्याचें रगत दवरल्यार तांचो पयलो भुरगो वाचतलो.
16


मध्यान राती इजिप्तांत व्हडलो रडणो जालो. मरण आयलें. दर एका घरांत एकल्याक तरी मरण आयिल्लें.
17


“भायर सर” फारोन मोयजेसाक विनवणी केली. “जा, सर्वेस्पराची सेवा कर.” रोखडेंच देवाचे लोक इजिप्ताचे शिमेभायर वचपाक लागले.
18


देवान मोयजेसाक पास्काची रात याद करुंक सांगलें कारण देवाचें देवदूतान इस्रायल घरां वयल्यान वचून फारो आनी ताच्या लोकांक मारलें.
19


इजिप्तांत ४३० वर्सां उपरांत देवाचे लोक आतां मुकत जाले. देवान तांकां दिसांत मेघाच्या खांब्यान आनी रातच्या वेळार उज्याच्या खांब्यान व्हेलें.
20













अलविदा फारो!

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

निसर्ग ४-१५

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

25




11 60

26

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16